**गोरवां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवेखातीर 21 दोनचाकी स्कुटरी भेटयल्यो**

ता. 4 ऑगस्ट 2023

गोरवां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा संचालनालयाच्या पशुचिकित्सा सेवेत सुदारणा करपा खातीर खात्याक 21 दोनचाकी स्कुटरी भेटयल्यो. आयज पर्वरी सचिवालय प्रकल्पात जाल्ल्या कार्यक्रमात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोरवां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा खात्याचे मंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर हांच्या उपस्थितीत ह्यो दोन चाकी भेटयल्यो.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दुदकार शेतकारांक वेळार आनी बरी सेवा दिवपा खातीर सरकाराचे प्रयत्न आशिल्ल्याचे सांगलें. गोरवां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा खात्याचे कर्मचारी आनी दोतोर ह्यो दोनचाकीं घेवन दुदकार शेतकारांच्या घरा वचून जनावरांचेर रोकड्या रोकडे उपचार करपाक शकतले. दुदकार शेतकांर हो ग्रामीण वाठारांनी दूद वेवसाय करता, अशां वाठारांनी बेगीनात बेगीन पावपाखातीर ह्या वाहनांचो फायदो जातलो.

गोरवां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा खात्याचे मंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर हांणी खात्यावतीन दिवचल, पणजी आनी चिकली वाठाराखातीर पशुचिकित्सा एम्बुलन्स सेवा सुरू करपात येतली, अशें सांगलें.

गोरवां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा खात्याचे सचीव श्री. सरप्रित सिंग, संचालक डॉ. आगोस्तिन मिस्किता आनी खात्याचे कर्मचारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/596

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.